# कोंकणी पुस्तक-सूची
# 2022

nbt.india
एकः सूते सकलम्

नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया

Catalogue of Konkani Publications 2022

संचालक, राष्ट्रीय पुस्तक न्यास, भारत
शैक्षणिक मंत्रालय, भारत सरकार
नेहरू भवन, 5 इन्स्टिटयुशनल एरिया, फेज–II
वसंतकुंज, नवी दिल्ली 110070 यांनी प्रकाशित केले.
www.nbtindia.gov.in

Lasertypeset at Mac Script, Pune and
printed at First Impression, Noida

# मांडावळ


आमचेंविशी 5

आमची प्रकाशन कार्यावळ 10

*पुस्तकामाळेप्रमाण पुस्तकांची सूची* 15-23

युव भारती 15

लोकप्रिय विज्ञान 16

विविध 17

आदान प्रदान 17

अक्षर साहित्य 17

लोकवेद 17

नेहरू बाल पुस्तकालय 18

सर्जनशील शिक्षण 23

निरंतर शिक्षणमाळ 23

नॅशनल बुक ट्रस्ट बुक क्लबाचे वांगडी जायात 25


**नोंद :** पुस्तकांचे मोल मागणी पूर्ण करपाचे वेळार बदलूक शकता.

# आमचेंविशीं

नॅशनल बुक ट्रस्टाची स्थापणूक वर्सा 1957 जाली. भारत सरकारान ही संस्था पुस्तकां आनी वाचपाची आवड समाजांत वाडोवपाखातीर स्थापन केल्या. संस्थेचे कार्यक्षेत्र पांच मुखेल मळांनी वांटलां : (1) प्रकाशन (2) पुस्तकांचो प्रचार-प्रसार आनी वाचपा वृत्तीक उर्बा (3) विदेशांत भारतीय पुस्तकांचो प्रसार (4) लेखक, प्रकाशकांक पालव आनी (5) बालसाहित्याक उर्बा. ह्या कार्यक्षेत्रांचो तपशील सकयल दिला.

**प्रकाशन**

समाजांतले सगले वर्ग आनी पिराय गटांतल्या वाचकांखातीर आमी तरेकवार वाचनीय साहित्य उजवाडायतात. हातूंत ल्हान मुरग्यांखातीर पुस्तकां आनी नवसाक्षरांखातीर वाचनीय पुस्तकांचो आसपाव जाता. आमच्या वेगवेगळ्या माळांवरवी योग्य मोलांतले ललित साहित्य आनी हेर पुस्तकां हिंदी, इंग्लीश आनी हरे सोळा मुखेल भारतीय भासांनी आमी उजवाडयतात. हयो भासो आसात - असमिया, बांगला, गुजराती, कन्नडा, कश्मीरी, कोंकणी, मळयाळम, मणिपूरी, मराठी, नेपाळी, उडिया, पंजावी, तमीळ तेलुगू आनी उर्दू इ. भायर प्रयोग म्हणून भुरग्यां खातीर वेंचीक पुस्तकांचो अणकार संथाली आनी आओ नागा, भुतिया, बोडो, गारो, खासी, कोकबोरक, लेपचा, लिंबू, मिसींग, मिझो आनी नेवारी ह्या ईशान्य भाशांनी जाला.

ज्या पुस्तकांचे प्रकाशन म्हत्वाचे असूनय, सादारणपणान भारतात जांचेकडेन आडनदर जाता तांचेकडेन आमी खेरीत लक्ष दितात. हांतूत सामान्य वाचकांखातीर लोकप्रिय विज्ञान आनी हेर माहितीपूर्ण पुस्तकांचो आस्पाव आसा, तशेच देशांतल्या वेगवेगळ्या तासांचेर पुस्तकां आसात.

दरेके भाशेंतलीं मूळ आनी आणकारित पुस्तकां आनी नव्या आवृत्त्यांचो नेट वाडोवन पुस्तकांचो एक संतुलित संच दिवपाचो आमचो यत्न चडसो फळादीक जाला. आमच्या पुस्तकांच्या विपणनाखातीर नवें आनी लवचीक धोरण आपणावपन आमी देशभर विक्री आनी वितरण वेवस्थेचे परिणामकारक जाळें पातळायतात. पुस्तकांचे मोल परवडचें आनी ती सोपेपणान उपलब्ध जावचीं हो आमचो हाचेफाटलो हेत आसा.

**पुस्तकांचो प्रचार-प्रसार आनी वाचपाची उदरगत**

देशभर पुस्तक मेळावे आनी प्रदर्शनां घडोवन हाडून पुस्तकांचो प्रसार-प्रचार आनी वाचपाची उदरगत करपाखातीर आमी म्हत्वाची भूमिका सादल्या. खाजगी आनी भौशिक मळावेल्या प्रकाशकांनी योग्य दरांत उजवाडायिल्या वेंचीक पुस्तकांची भाशेप्रमाण आनी विशयाप्रमाण प्रदर्शनां घडोवन हाडपाक आमी सुरवात केल्या. हातूंत खेडेगांव वाठारांनी नववाचकाखातीर घडोवन हाडटात त्या वाचन सामुग्रीच्या प्रदर्शनांचोय आस्पाव जाता. सप्टेंबर 1992 त सुरू केल्ले हे येवजणेप्रमाण आयजमेरेन आमी ईशान्य राज्यांनी धरून देशाच्या सगल्या राज्यांनी 5,000 वयर प्रदर्शानां आयोजीत केल्यांत.

आमी दिल्लींत विश्व पुस्तक जात्रा घडोवन हाडटात. फकत आमच्या देशांत जावपी वेवयासीक पुस्तक मेळाव्यांमदी न्हय, तर आशिया आफ्रिकेंतलो हो सगल्यांत व्हड पुस्तक मेळावो. तांतूत देशी आनी विदेशी मेळून 1,200 पुस्तक वेवसायी येतात. प्रगती मैदानाच्या वेगवेगळ्या सभाघरांनी तेखातीर 20,000 ते 30,000 चोखण मी. सुवात आस्पावित जाता. विश्व पुस्तक जात्रा एकेक वर्स सोडून जाता. पयलीच नवी दिल्ली विश्व पुस्तक जात्रा 1972 त जाल्ली. 14 व्या नवी दिल्ली विश्व पुस्तक जात्रेचो केंद्रबिंदू बालसाहित्य आशिल्लो. 15 वी जात्रा 25 जानेवारी ते 4 फेब्रुवारी 2002 मजगतीं गडगंज पांवड्यार यशस्वी जाल्लो आणि केंद्रबिंदू आशिल्लो अणकारीत साहित्य. 16 वी जात्रा 14 ते 22 फेब्रुवारी 2004 मजगतीं जाल्ली आनी भारताचें विज्ञान आनी तंत्रगिन्यानाच्या मळार संवसारांतलें योगदान ह्या विशयाचेर ती केंद्रीत आशिल्ली.

17 वी पुस्तक जात्रा प्रगती मैदानार नवी दिल्लीत 27 जानेवारी ते 4 फेब्रुवारी 2006 मजगतीं जाली. हे जात्रेचो विशय 'भोव संस्कृतीक समाजांतली संमिश्र संस्कृताय' असो आसलो. जात्रेंत 1,300 जाणांनी वांटो घेतिल्लो; हातूंत 19 देशांतले 37 जाण वेवसायी आसले. जात्रा 36,000 चौखण मिटर क्षेत्रफळाचेर पसरिल्ली. 20 वी पुस्तक जात्रा प्रगती मैदानार नवी दिल्लीत 25 फेब्रुवारी ते 4 मार्च रोजी आयोजीत केली असा. हे जात्रेचा केंद्रबिंदू आशिल्लो 'भारतीय सिनेमाची 100 वर्सां आनी साहित्य'.

2013 सावन दर वर्सा आतां 'विश्व पुस्तक मेळ' घडोवन हाडटले म्हण तुमकां सगल्यांक कळोवपाक आमकां खोस भोगता. 2013 वर्साचो 21 वो 'विश्व पुस्तक मेळ' नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानार 4 ते 10 फेब्रुवारी 2013 मजगतीं आयोजीत केल्लो. 'आदिवासी साहित्य आनी संस्कृताय' चेर केंद्रीत थीम पावेलीअन हें ह्या मेळांतलें खाशेलें आकर्शण आशिल्लें. 2014 वर्साचो 22 वो 'विश्व पुस्तक मेळ' नवी दिल्लीच्या

प्रगती मैदानार 15 ते 23 फेब्रुवारी 2014 मजगतीं आयोजीत केला. 2015 वर्साचो 23 वो 'विश्व पुस्तक मेळावो' नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानाचेर 14 ते 22 फेब्रुवारी 2015 मजगतीं आयोजीत केल्लो. 2016 वर्साचो 24 वो 'विश्व पुस्तक मेळावो' नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानाचेर 9 ते 17 जानेवारी 2016 मजगतीं आयोजीत केल्लो. 2017 वर्साचो 25 वो 'विश्व पुस्तक मेळावो' नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानाचेर 7 ते 15 जानेवारी 2017 मजगतीं आयोजीत केल्लो. 2018 वर्साचो 26 वो 'विश्व पुस्तक मेळावो' नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानाचेर 6 ते 14 जानेवारी 2018 मजगतीं आयोजीत केल्लो. 2019 वर्साचो 27 वो 'विश्व पुस्तक मेळावो' नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानाचेर 5 ते 13 जानेवारी 2019 मजगतीं आयोजीत केल्लो. 2020 वर्साचो 28 वो 'विश्व पुस्तक मेळावो' नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानाचेर 4 ते 12 जानेवारी 2020 मजगतीं आयोजीत केल्लो.

नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया ह्या अपूर्व पुस्तक मेळांत तुमकां सगल्यांक मनाकाळजांतल्यान येवकार दिला.

पुस्तक उद्देग वाडीक लागचो म्हूण आमी दोन वर्सांनी एकदां राष्ट्रीय पुस्तक जात्रा घडोवन हाडटात. पुस्तकांची उदरगत, निर्मिती आनी विपणन ह्या मळांचेर वावुरप्यांखातीर आमी परीसंवाद आनी कार्यशाळा घडोवन हाडटात. आमी प्रकाशक वेवसायीकांखातीर प्रशिक्षण आनी उजळणी अभ्यासक्रम घडोवन हाडटात आनी तरनाट्यांच्या प्राविण्याक उर्बा दिवपाखातीर एका म्हयन्याचो पुस्तक प्रकाशनाचो अभ्यासक्रम घडोवन हाडटात. 1996 सावन आमी असले 8 अभ्यासक्रम घडोवन हाडले. कानपूर, नाशिक, अलिगढ़, गोंय आनी थिरुवनंथपुरम ह्या सुवातांचेरूय अभ्यासक्रम घडोवन हाडले. हेर भारतीय भासांनी अश्योच कार्यावळी घडोवन हाडपाचो आमचो हावेस आसा.

पुस्तक उद्येगाचे उदरगतीखातीर आमी क्षेत्रीय आनी खेडेगांव पांवड्यार मेळाव्यांखेरीज दर वर्सा राष्ट्रीय पुस्तक मेळावो घडोवन हाडटात. आयजमेरेन आमी अहमदाबाद, बंगळूर, भोपाळ, कलकत्ता, चंदीगड, चेन्नाई, हैदरबाद, इंदुर, जयपूर, लखनौ, मुंबई, नागपूर, नवी दिल्ली, पाटणा आनी तिरुवनंतपुरम ह्या शारांनी 28 राष्ट्रीय पुस्तक मेळावे घडोवन हाडल्यात. आमी देशाच्या 30 शारांनी 15 परस चड भुरग्यांच्या पुस्तकांच्यो जात्राय घडोवन हाडल्यात. देशाच्या 21 व्हड शारांनी 24 क्षेत्रीय पुस्तक मेळावे/सुवाळे घडोवन हाडलें. आपल्या मोगाळ लेखकाक मेळात, आनी हेर साहित्यीक कार्यावळी ह्या मेळाव्यांचे मुखेल खाशेलपण थारता. हे भायर, आमी देशभरांत 50 प्रदेशीक पुस्तक जात्रा घडोवन हाडल्यात. पुस्तक निर्मिती, रचना आनी तांची विक्री आनी खरेदी ह्या वावराकडे संबंदीत लोकांखातीर आमी परीसंवाद आनी कार्यशाळा घडोचप हाडटात.

दर वर्सा 14 ते 20 नोव्हेंबर मजगती आमच्या फुडाकारान शिक्षणीक आनी हेर संस्था, साहित्यिक संस्था आनी प्रकाशन घरांवरची पुस्तकां विशिच्यो कार्यावळी, सर्ती आनी पुस्तक प्रदर्शनां घडोवन हाडून राष्ट्रीय पुस्तक सप्तक मनयतात. ह्या सप्तकांत भुरग्यांची पुस्तक जात्राय घडोवन हाडटात. टपालान व्हडा प्रमाणात प्रचार-प्रसार सामुग्री धाडिल्ल्यान तशेंच इलेक्ट्रॉनीक आनी मुद्रण माध्यमांतल्यान केल्या उमेदीच्या वांटेकाराक लागून हो विचार देशभर पातळावपाक आमी यश जोडलां.

2003-2004 वर्स हें भारताखातीर अभिमानाचें वर्स थारलें. कारण राजधानी दिल्ली शाराक युनेस्कोन विश्व पुस्तक राजधानी म्हूण भोवमान दिलो. आंतरराष्ट्रीय प्रकाशक संघटनेन (आयपीए) आनी हेर संबंदीत आंतरराष्ट्रीय यंत्रणांनी ह्या निर्णयाक एकाच पांवड्यांर तेंको दिलो. अलेक्झांड्रीया आनी माद्रीदासावन दिल्ली शार हो पांवडो मेळोवपी तिसरें शार. केंद्र सरकाराच्या मनीसबळ साधनां उदरगत मंत्रालयान ह्या वर्सा नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया संस्थेक पुस्तकांसंबंदी कार्यावळी घडोवन हाडपाक मुखेल यंत्रणा म्हूण नियुक्त केली.

मुकुटांत आनीक एक पीस खोयलें तें म्हळ्यार फ्रँकफर्ट पुस्तक जात्रा 2006, हातूंत भारताची सोयरो देश म्हूण निवड जाल्या. फ्रँकफर्ट पुस्तक जात्रा ही संवसारांतली सगल्यांत व्हड आंतरराष्ट्रीय पुस्तक जात्रा थारता. ती दर वर्सा फ्रँकफर्ट-जर्मनीत जाता. पुस्तकांक उर्बा दिवपाक देशाची बुदवंत फिशाल-कायेची तांक आनी गिन्याक प्रसाराचें तंत्र दाखोवपाक ही एक संवसारीक माची थारता. दर वर्सा फ्रँकफर्ट जात्रा अधिकारीणावरवीं एका देशाक मानाचे सोयरे म्हूण आपयतात. भारत हो एकमेव देश आसा जाका हो सोयरो देशाचो भोवमान दोन खेपे फावो जाला - पयलीं 1986 त आनी आतां 2006 वर्सा.

एनबीटीन स्वता भारत हो वाचकांचो समाज जावपाची जापसालदारकी उखलल्या. हें साध्य करपाक ट्रस्टान, देशभर व्हडा आवांठाच्यो जागृताय कार्यावळी सुरु केल्यात.

वाचपाची वृत्ती वाडीक लागची हेखातीर आमी नॅशनल बुक ट्रस्ट क्लब येवजणेक सुरुवात केल्या. ह्या क्लबाचे वांगडो आमच्या सगल्या प्रकाशनांचेर 20% खास सवलत आनी व्ही.पी.पी. न पुस्तकां मागयतना टपालाचेर खास सूट मेळोवंक शकतात. ह्या बुक क्लबाच्या आजीवन वांगडीपणाची वर्गणी फकत 50 रुपया आसा. तशेंच सगळ्या वांगड्यांक नॅशनल बुक ट्रस्टाच्या म्हयनाळ्या संवादपत्रावरवी नव्या पुस्तकांची म्हायतीय पावयतात.

## भारतीय पुस्तकांचो विदेशांत प्रसार

भारतीय पुस्तकांचो विदेशांत प्रसार करपाखातीर आमी मुखेलपणात दक्षिण आशिया आनी आफ्रिका हांगाच्या काय देशांतल्या आंतरराष्ट्रीय पुस्तक मेळाव्यांनी वांटो घेतात आनी वेगवेगळ्या भारतीय प्रकाशकांनी उजवाडाविल्ल्या वेंचीक पुस्तकांच्या प्रदर्शनाखातीर खास प्रदर्शनां घडोवन हाडटात. 1970 सावन आयजमेरेन आमी सुमार 300 आंतरराष्ट्रीय पुस्तक प्रदर्शनांनी वांटो घेतलो. हातुंल्या ज्या मुखेल मेळाव्यांनी आमी नेमान वांटो घेतात ते फ्रँकफर्ट पुस्तक मेळावो, लंडन पुस्तक मेळावो, बोलोना पुस्तक मेळावो, झिंबाब्वे आंतरराष्ट्रीय पुस्तक मेळावो, कायरो आंतरराष्ट्रीय पुस्तक मेळावो, बिजींग, श्रीलंका, ढाका आंतरराष्ट्रीय पुस्तक मेळावो, ऑस्ट्रलिया पुस्तक मोळावो आनी बुडापेस्ट पुस्तक मेळावो हे आसात.

## लेखक आनी प्रकाशकांक पालव

उंचेल्या शिक्षणाखातीर फावशा मोलांतल्या पुस्तकांच्या प्रकाशनाक उर्बा दिवपाखातीर आमी पाठ्यपुस्तकां आनी संदर्भग्रंथांच्या लेखकांक आनी प्रकाशकांक अर्थीक पालव दितात. ज्या विशयांचेर मानवल्ल्या पांवड्यावेली पुस्तकां सहज उपलब्ध नात वा जांचे मोल विद्यार्थ्यांचे कुवतीभायलें आसा आनी ज्या पुस्तकांची अती गरज आसा, फकत असल्याच पुस्तकांक आमच्या पुस्तक प्रकाशन पालव येवजणेतल्यान अर्थीक मदत दितात. आयजवेर आमी चडशा इंग्लीशींतल्या 930 परस चड पुस्तकांच्या प्रकाशनाखातीर मदत दिल्यां. आतां हाजेमुखार इंग्लीश पुस्तकांची निवड साप जतनायेन करपाचो निर्णय घेतला आनी भारतीय भासांतल्या प्रकाशकांक हे येवजणेंतल्यन चंडातचड लाव घेवपानदरेन आमी उर्बा दितले. तशेच भारतीय भासांतल्या ललित सोडून वैचारिक पुस्तकांच्या प्रकाशनाक अर्थीक मदत मेळोवन दिवपाखातीर हे येवजणेचो विस्तार केला. वैचारीक पांवड्यावयल्यो बिगर-साहित्यीक कृती म्हळ्यार शब्दकोश आनी ज्ञानकोशांचोय हातूंत आस्पाव जाता.

## बालसाहित्याक उर्बा

वेगवेगळ्या भारतीय भासांतल्या बालसाहित्याची जपणूक, नियोजन आनी मदत करपाखातीर आमी राष्ट्रीय बालसाहित्य केंद्राची स्थापणूक केल्या. तें बालसाहित्याचे वाचनालय आनी प्रलोखन अनुभागाची उदरगत करता. केंद्र कार्यशाळा आनी प्रदर्शनां आयोजीत करता आनी वाचप्यांचे क्लब स्थापन करून शालेय पांवड्यार वाचनाचे संवयेक उर्बा दिता. केंद्र संशोधनाचेंय काम करता आनी बालसाहित्याचेर एक नेमाळें उजवाडाक हाडूंक सोदता.

# आमची प्रकाशन कार्यावळ

आमी ज्या थारायल्ल्या पुस्तक माळांखाला पुस्तकां उजवाडायतात तांचो तपशील सकयल दिला:

### *भारत-देश आणि लोक*

भारत-देश आनी लोक हे माळेंत भारतांतले वेगवेगळे भुगोलीक वाठार, भोवआयामी संस्कृतीक परंपरा, हांगाचें रानवटी जिवित आनी तरेकवार भोवरंगी गोफांनी आकाराक आयिल्ल्या भारतीयत्वाची वळख घडयतात.

हे माळेंतली पुस्तकां तज्ञांनी सुबोध भाशेंत बरयल्यात. भारताकडे संबंदीत आशिल्ल्या खंयच्याच विशयावेली मुळावी आनी अद्ययावत माहिती ह्या पुस्तकांत दितात, हातुंल्या खंयच्याय विशयाचें पूर्वज्ञान नाशिल्ल्या वाचकांकूय हीं पुस्तकां आवडटली.

### *तरुण भारती*

हे माळेंतल्या पुस्तकांचो मुखेल हेत 18 ह्या पिराय गटांतल्या तरणाट्या चले-चलयांक तांच्या मुखावेल्या आयुश्यांन समाजीक, अर्थीक आनी राजकी समस्या आनी तेविशींच्या दृष्टीकोनांची जाण करून दिवप आनी तांचो उमळशीक जागोवन तांकां अदीक वाचनाखातीर उर्बा दिवप हो आसा.

भोवंडी आनी वेवसायीक संदीविशींचीं पुस्तकां हे माळेंत नव्यात गुथल्यांत. हातूंतल्यान तरणाट्या वाचकांक फुडारांतले जिणेंत मुखार येवपी कितल्याशाच निर्णयांची सवकळ जातली.

### *लोकप्रिय विज्ञान*

सामान्य सुशिक्षित वाचकाक आपल्या सरभोंवतणच्या घडणुकाविशीं चड जागृत करप आनी ह्या घडणुकांफाटले विज्ञान आनी तंत्रगिन्यानाची भूमिका समजप आनी हेचवांगडा फावो थंय ह्या मळावेले भारतीय प्रगतीचो आलेख नोंदप हो हे ग्रंथमाळेचो हेत. हे मालेंतली पुस्तका सरळ आनी वाचनीय शैलींत बरयल्यांत. विज्ञानीक संकल्पना समलावन सांगपाखातीर सदांच खरे जिणेंतल्यो घडणुको प्रसंगांच्यो देखी वापरिल्ल्यान ही शैली फुलून आयल्या. ह्या माळेंन तक्ते, आकृतायो आनी छायाचित्रांचो नेमको वापर केला.

### *आदान-प्रदान*

भारताच्या वेगवेगळ्या भासांतल्यान जाल्ली बेसबरी साहित्य निर्मिती हेर भाशिकांकूय मेळची हो हे ग्रंथमाळेचा हेत. एके भाशेंतली कलाकृती अणकारित जाल्ल्यान त्या खाशेल्ल्या भाशावाठारांतली लोकजीण, रितखीस, आचारविचार, सुखदुख्खां हांची वळख हेर वाठारांतल्या लोकांक जाता.

### *अक्षर वाङ्मय*

आदान-प्रदान हे माळेंत फक्त आर्विल्ल्या साहित्यकृतींची वळख करून दितात, देखून आमी भारतीय अक्षर साहित्य ही माळ घडयल्या.

### *लोकवेद*

सुरवेक लोकवेद माळेचो हेत एका वाठारांतल्या वाचकाक देशांतल्या हेर वाठारांनी रावपी लोकांची सांस्कृतीक अस्मिताय घडल्या त्या लोकवेदाची वळख करून दिवप हो आशिल्लो. वाठार, लोक, आख्यायिका, पुराणां, धर्म, चालीरिती, परंपरा, जात्रा आनी उत्सव, संगीत, नाच, नाटक, कला आनी हस्तकला, आनी लोकसाहित्य ह्या विशयांचे वर्णन हे माळेंतल्या पुस्तकांनी मेळटालें. आतां ह्या साचेबद्ध रचनेंतल्यान भायर सरपाचें थारायलां आनी लोकवेद, निर्मितीखालच्या लोकवेदासयत सादर करपाचें थारायलां. हाचो मुळावो हेत, चित्रां आनी कथानकासयत ओडलायणी मांडावळ दिवची हो असा.

### *राष्ट्रीय चरित्रमाळ*

ज्या भारतीय दादले बायलांनी भारतीय समाज, संस्कृताय, अर्थकारण, राजकारण हातूंतल्यान आर्विल्ल्या भारतीय मानसाची उदरगत करपाक मोलादीक भर घाल्या तांची चरित्रां तयार करप हो राष्ट्रीय चरित्रमाळेचो हेत. तांचे जिणेचो आनी कालखंडाचो खरो, वस्तुनिष्ठ, सर्वसमावेशक आनी विस्कटावणे सयत नियाळ हे माळेंत घेतला.

आतां हे माळेंत जीणेचित्रांतल्यान उदेवपी कलाप्रकारांचे दर्शन, समाजीक आनी राजकी चळवळींची आनी विचारधारांची माहिती दिवपाची येवजण आकार घेता.

### *लोकांआवडीचें समाजशास्त्र*

हे वेळेरेंतलीं पुस्तकां सर्वसादारण वाचप्याक लोकांआवडीच्यो समाजीक कल्पना आनी विचार हांची वळख करून दितात. हे वेळेरेंत लिंगभेद अभ्यास, आदिवासी जमातींचो अभ्यास, शांतताय आनी संघर्शाचो अभ्यास, विकास अर्थकारण, समाजीक घडण, बी हे विशय केंद्रस्थानार आसात. हे विशय सर्वसादारणपणान पंडिती चर्चेच्या वाठारांत उरल्यात आनी देखून ह्यो कल्पना सर्वसादारण वाचप्याक बिगर पंडिती आनी आटीव एकविशयी निबंदांच्या रुपान दिवच्यो अशी खर गरज भासल्या.

### *भारता भायल्या मूळ भारतीयांचो अभ्यास*

हे वळेरे खालचीं पुस्तकां संवसारभर पातळिल्ल्या मूळ भारतीय समाज आनी समाजाचीं कामां हांकां केंद्रस्थानार दवरतात. ह्या अभ्यासांतल्यान संस्कृतायां मदल्या आदानप्रदान, भायरावणी आनी वनवास, स्थलांतरण, देशांतरण, बी हांचो साहित्य, समाजशास्त्र, संस्कृताय, तत्वज्ञान, बी हांचेर जाल्ल्या परिणामांची खाशेलीं तासां मुखार हाडूंक सोदतात. अभ्यासाचें म्हत्वाचें क्षेत्र म्हणून मुखार आयिल्ल्यान नॅ. बु. ट्रस्टाची हे प्रकाशनाच्या वाठारांतली मुसंडी हो एक भगीरथ प्रयत्न.

### *आफ्रिकी-आशियी देश*

वसणूकवादी सत्तां उपरांतच्या संवसारांत, आशिया आनी आफ्रिका खंडां वयले देश हे संस्कृतीक, समाजीक, राजकी आनी अर्थीक शक्ती म्हणून मुखार सरल्यात. अशें जाल्ल्यान तांचा एकेच तरेच्या हुसक्यांक लागून तें अभ्यासाचें एक म्हत्वाचें क्षेत्र जालां. हे वळेरेंतलीं पुस्तकां ह्या भुगोलीक-राजकी प्रदेशांनी सोंसूंक येवपा इतलो विकास, विज्ञान आनी तंत्रगिन्यानाच्या क्षेत्रांनी संवसारीकरण आनी एकामेकाचेर पातयेवणी, वेपार, शेतकाम, मुळावीं सोंपेपणां, शिक्षण, भलायकी, डावपेंचांचे सांगात, बी हे विशय केंद्रस्थानार दवरतात.

### *नेहरू बाल पुस्तकालय*

नेहरू बाल पुस्तकालय हे माळेंत भुरग्यांखातीर मनोरंजक आनी माहितीपूर्ण साहित्याची कोठी आसपावता. आपूण जावन भुरग्यांक वाचचीं कशीं दिसची अशीं हीं पुस्तकां. भारतभरच्या भोवभाशी भुरग्यांक आपले आवशभाशेंत तरेकवार विशयांचेर समान साहित्य वाचपाक मेळटा आशिल्यान हे माळेंतल्यान राष्ट्रीय एकवटाचो हेत सोपेपणान सादता.

इतिहास, लोककथा, सणपरबो, राष्ट्रीय चळवळ, विज्ञान आनी तंत्रगिन्यान, मोनजाती, वनस्पत जीण, साहित्य, खेळ, आदिवासी जीण, भारतीय चित्रशैली, व्हड भारतीय लेखकांच्या साहित्यांतलें कांय नमुने असो हे माळेंतल्यां पुस्तकांचो आटाप थारता.

हे माळेंतली पुस्तकां चार पिरायगटांतल्यां भुरग्यांखातीर आसात. शाळेपयलीं, स ते आठ, णव ते इकरा आनी बारा ते चवदा अशें हे पिरायगट आसात. हे माळेंतल्या सगल्या पुस्तकांखातीर ट्रस्ट खास चित्रांकन करून घेता. सगल्या पुस्तकांनी उपाट रंगीत वा एकरंगी चित्रां, रेखाटना आनी छायाचित्रां आसतात. शाळेपयलींच्या पिरायगटांतल्या भुरग्यांच्या पुस्तकांतलो मजकूर खूब थोडो आसता. सोपेपणात काणी सांगपी भोवरंगी चित्रांभोंवतणी तो गुंथिल्लो आसता.

## *संवसारीक साहित्य*

स्वातंत्र्याउपरांतच्या काळातल्या वेंचीक भारतीय कादंबऱ्यांचो अणकार इंग्लीशींतल्याप करप आनी भारतीय भासांतल्या साहित्याचो संवसारीक पांवड्यांपार प्रसार करप हो हे माळेफाटलो हेत. तशेंच मुखेल भारतीय भासांतल्या वेंचीक लघुकथांचे झेले लेगीत हे माळेखाला इंग्लीशींत उजवाडायतात. तेखेरीज, आशिया, आफ्रिका आनी लॅटिन अइमेरिकेच्या वेगवेगळ्या देशांतल्या वेंचीक कथासाहित्याचें प्रकाशन करून तांच्या समकालीन साहित्याची वळख भारतीय वाचकांक करून दिवपाची ही येवजण.

## *सर्जनशील शिक्षण*

पूर्व प्राथमिक आनी प्राथमिक शिक्षण मळावल्या नव्यो शिक्षणीक संकल्पना आनी शिक्षण पद्धतींचो प्रसार करपाखातीर सर्जनशील शिक्षणमाळेची सुरवात केल्या. हो माळेचो भर कृतीशील दृष्टीकोनाचेर आसून, शिक्षण आनी शिक्षणीक मळाकडेन संलग्न आशिल्ल्यांच्यो गरजो मतींत घेवन हे माळेची आंखणी केल्या.

## *निरंतर शिक्षण*

स्वातंत्र्याच्या भांगरा उत्सवानिमतान खेडेगांव वाठारांतल्यां वाचकांखातीर वेगवेगळ्या भारतीय भासांनी पुस्तकां तयार करपाची येवजण आमी चलणुकेंत हाडली. हीं पुस्तकां मुळचें शिकप घेतिल्ल्या खेडेगांव वाठारांतल्या वाचकांखातीर तयार केल्यांत.

तांकां वेगवेळे तरेची माहिती दिवपाचो हे माळेचो हेत आसा. हे माळेंत दरेके भारतीय भाशेंतल्या स्वातंत्र्याविशींच्या वेंचीक गीतांचे संकलन केलां.

## *ब्रेल साहित्य*

दृष्टीहीण वाचकांखातीर नॅशनल बुक ट्रस्टान ब्रेल लिपींतल्या प्रकाशनाक सुरवात केल्या आनी हिंदी आनी इंग्लीश भाशेंतल्या ब्रेल पुस्तकांचो संच उजवाडाक हाडाला. वेंचीक भारतीय भासांतली पुस्तकां ब्रेलांत हाडल्र्यांत.

## *आशिया-प्रशांत सहप्रकाशन कार्यावळ*

आशियांतल्या भुरग्यांखातीर आशियांतल्या लेखकांनी पुस्तकां तयार करपाचो हे युनेस्कोचो नवो प्रकल्प. कोरियांतल्या भुरग्यांक श्रीलंकेंतल्यां भुरग्यांकडेन आपल्या कल्पनांचे दिवप घेवप करूंक मेळचें ही सादी गजाल न्हय. आपल्या खंडातल्या वीसेक देशांच्या संपादक मंडळांत भारतीय आनी पाकिस्तानी संपादक आपल्या भुरग्यांक किदें आवडटलें हाचो एकठांय येवन विचार करतात ही एक बरी सुरवात आसा. तेहरनासावन तोकयो मेरेनच्या तरेकवार रंगांची ही मजा, ह्या खंडांतल्या तशेंच संवसारांतल्या भुरग्यांकूय मुजरत आवडटली. मनांमनांतलें अंतर पयस करपी ह्या व्हड खंडाचें हें एक मोलादीक दायज थारता. आशियांतलें हें बेस बरें बालसाहित्य.

## *नवसाक्षर साहित्यमाळ*

हे माळेंतलीं पुस्तकां खेडेगांवांतल्या कार्यशिबिरांतल्यान तयार जातात. हातूंत थळावे लोक वांटेकार जातात. कांय पुस्तकां जाणकारांकडल्यान आनी हेर लेखकांकडल्यान बरोवन घेतात. खास हे माळेखातीर कांय पुस्तकां संक्षिप्त रूपांत घेतात. लोकांक संवकळ आसा अशे शैलीचो वापर ह्या पुस्तकांत मुखेलपणान जाता. तांची क्षेत्रचांचणीय घेतात. हे माळेंतल्या पुस्तकांत उपाट चित्रां आसतात.

लघुकथा, चरित्रां, नवलिका, लोककथा, आर्विल्ल्या समस्याचें चित्रण आनी उपेगी म्हायती हेंखातीर नवसाक्षरांक वाचपाक प्रवृत्त करपी शैली वापरतात.

## *विविध*

हेर खंयचेच माळेंत येनात अशीं पुस्तकां विविध माळेंत गुंथतात.

## *आत्मचरित्र*

हे वळेरींत राष्ट्रीय पांवड्यार समाजीक, संस्कृतीक, राजकी आनी साहित्य मळांवेल्या म्हत्वाच्या भारतीयांच्या आत्मचरित्रांचो आसपाव जातलो.

# युव भारती

1. **आमवें पर्यावरण**

   Our Environment — ISBN 81-237-4173-1

   *लईक फतेहअली* — पा. 112 ₹ 45.00

   *अणकारपी : श्याम वेरेंकार*

   सोपे सुटसुटीत उतरांनी बरयल्लें हें पुस्तक. ह्या पुस्तकांत देशांतल्या विविध सैमीक पर्यावरणाच्या आंगांविशीं, तांचो वापर आनी नकसूद आविश्कारासयत वर्णन आयलां. मनशान सैमाचेर पातयेवन रावचें हें न्हयकारिनासतना लेखकान मनीस गरजेभायर पर्यावरणाचेर हावळ कशी हाडटा आनी तांचे लुकसाण करता ताचेर भर दिला.

2. **भारतीय समाज**

   Indian Society — ISBN 81-237-2686-4

   *श्यामचरण दुबे* — पा. 133 ₹ 35.00

   *अणकारपी : चंद्रकांत केणी*

   प्रो. दुबे हे आंतरराष्ट्रीय किर्तीचे समाजशास्त्रज्ञ, तरुण वाचप्याखातीर बरयिल्या ह्या पुस्तकांत तांणी भारताच्या अथांग इतिहासांन रूजिल्ली भारतीय समाजवेवस्थेतली विविधताय आनी एकचार, वर्णवेवस्था, जातीवेवस्था, कुटुंबवेवस्था, बायल-दादल्यांमदले संबंद, तशेंच सामाजिक बदलाचो नागरी आनी गावगिऱ्या समुहाचे फाटभूंयेचेर विचार केल्लो आसा.

# लोकप्रिय विज्ञान

1. **तुमचें अन्न आनी तुमी**

   You & Your Food — ISBN 81-237-2697-X

   *के. टी. अचय्या / अणकारपी : नारायण देसाई* — पा. 96 ₹ 30.00

   समतोल आहार म्हळ्यार किंते, सकस आहारांतले विंगड घटक आमकां कित्याखातीर गरजेचे, ते गरजेप्रमाण मेळले न जाल्यार कितें जातलें, भारतांतल्यो आहारपद्धती, आहारासंबदातले समज, अपसमज आनी आमची जिवरण यंत्रणा, हाचेर उद्‌बोधक आनी संतुलीत माहिती दिवपी ओडलायणें पुस्तक.

2. **बारीक-सारीक दुयेंसा**

Some Common Ailments ISBN 81-237-2661-9

*अनिल अग्रवाल* पा. 77 ₹ 30.00

*अणकारपी : भिकाजी घाणेकर*

बारीक-सारीक दुखण्या संबंदान जाणा जावप खूप गरजेचें. ह्या पुस्तकाच्या आदारान आपली कूड, तिचें काम आणि दुखणी हाचेविशी वाचप्यांक बरी म्हायती मेळटली. एका दोतोरान बरयल्लें हें पुस्तक, ॲलर्ती, करमदुखप, थंडी, दोळे येवप, गालगुटां, तकली उसळप कांय दुयेंसांचेर पुराय माहिती दिता आनी खूब तेंपाची उणीव भरुन काडटा.

## विविध

1. **हिंदू-धर्म म्हळ्यार कितें?**

What is Hinduism ISBN 81-237-1236-7

*महात्मा गांधी* पा. 112 ₹ 28.00

*अणकारपी : रवींद्र केळेकार*

गांधीजींनी हीं बरपां वेगवेगळ्या प्रसंगाचेर बरयिल्लीं आसली, तरूय तांतूतल्यान हिंदू धर्माचे जें एक रूप आमच्या मुखार उबें रावता तें विचारांचे संपन्नातायेचे आनी समग्रतायेचे नदरेन खूब व्हड.

ह्या पुस्तकांतल्या गांधीजींच्या चिंतपाची प्रासंगिकताय खरें म्हळ्यार सर्वकालीक. तरी आसतना इतिहासाच्या आयच्या प्रसंगार तिका एक आगळें वेगळें म्हत्व आसा.

2. **हांव नास्तीक कित्याक**

Why I am an Atheist ISBN 978-81-237-5276-1

*भगत सिंग* पा. 49 ₹ 30.00

*वांगडा प्रस्तावना : बिपन चंद्रा*

भगतसिंग हो भारतांतलो एक फकत व्हड स्वातंत्र्य सैनीक आनी समाजवादी क्रांतिकारीच नाशिल्लो, तर आदल्या तेंपावेलो एक मार्क्सवादी विचारवंत आनी तत्ववेत्तो आशिल्लो. भगतसिंगाची जल्मशती आनी शहीदांचे 75 वें वर्स मनयतना भगतसिंगाचीं हीं दोन बरपां भारतीयांमुखार दवरतना नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडियाक खऱ्यांनीच अभिमान भोगता, प्रा. बिपन चंद्रान ह्या पुस्तकाक प्रस्तावना बरयल्या.

## आदान प्रदान

1. **समकालीन कोंकणी लघुकथा**

   Samkalin Konkani Laghukatha ISBN 81-237-2357-1

   *संपादक : पुंडलीक नारायण नायक* पा. 196 ₹ 45.00

   *मुखेलचित्र : लक्ष्मण पै*

   कोंकणी कथा गोंय, कर्नाटक, केरळ आनी गोंयांभायर रावपी कथाकारांनी सातत्त्यांन विशय आनी आशयान समृद्ध केल्या. गोंयचे सुटके उपरांतचें 1970-80 हें दसक म्हळ्यार कोंकणी कथेचो वैभवाचो काळ, राष्ट्रीय आनी वैश्विक थराचेर हेर कथांकडेन नातें जोडून कोंकणी कथा आयज गतिशील आसा. ह्याच कथाविश्वांतल्यो वैशिश्ट्यपूर्ण अशो पंचवीस कथा हांगासर सादर केल्यात.

## अक्षर साहित्य

1. **श्यामची आई**

   Shyamchi Aai ISBN 978-81-237-6194-7

   *साने गुरुजी* पा. 251 ₹ 110.00

   *अणकारपी : ब्रॅण्डा मिनेझीस*

   साने गुरुजीने 'श्यामची आई' ह्या पुस्तकांत जें आवयच्या मोगोचें म्हान स्तोत्र रचून दवरलां असलें, अतिशय पवित्रतायेन आनी नमळायेन भरून ओंततलें महाकाव्य दुसऱ्या खंयच्याच साहित्यांत आसत, अशें म्हाका निखालस दिसना. जशें ज्ञानेश्वरांच्या 'ज्ञानेश्वरींत' तशेंच गुरूजींच्या 'श्यामची आई' ह्या दोनूय काव्यांत, शुद्ध आनी निर्मळ मोग, ओंतसर भरून व्हांवता.

## लोकवेद

1. **जेन्ना संवसार तरणो आशिल्लो**

   When the World was Young ISBN 81-237- 3465-4

   *वेरियर एलवीन* पा. 90 ₹ 30.00

   *अणकारपी : दामोदर घाणेकर*

   आदिवासी जमातींच्या पारंपारिक रिती रिवाजांची माहिती दिवपी मोलादीक पुस्तक. आदिवासी जीवन पद्धतीचेर उजवाड घालतना थंयचे मुक्ततायेन आनी धादोसकायेन भरील्ले तांचे जग आनी सैमीक सोंदर्य हांचो मेकळेपणान घेतिल्लो एक आढावो.

# नेहरू बाल पुस्तकालय

## *पिराय 6-8 वर्सां*

1. **आमची उपयोगी झाडां**

   Our Useful Plants — ISBN 81-237-1169-7

   *के. एस. सेखरन / चित्रकार : पुलक विश्वास* — पा. 32 — ₹ 11.00

   *अणकारपी : अनिल शंकर नाईक*

   ह्या पुस्तकांतली झाडां आमचेकडेन उलयतात. तीं कशीं वाडटात, कित्याचेर जगतात, कितें दितात तें कळून एका वेगळ्याच विश्वांत भुरगी रमतलीं. तरेकतरेची रंगबिरंगी चित्रां.

2. **म्हजे जिवीत : एका फुलपाकुल्याची काणी**

   My Life : A Tale of Butterfly — ISBN 81-237-3468-9

   *अंजन सरकार/अणकारपी : दिनेश रा. मणेरकार* — पा. 16 — ₹ 12.00

   ह्या पुस्तकांत पावला पावलान रुपां बदलपी फुलपाकुल्याची सुंदर जीण छायाचित्राच्या आनी शब्दांच्या आधारान चित्रायल्या.

3. **शेपडी**

   Tails — ISBN 81-237-1164-6

   *हाइड्रोस आलुवा / चित्रकार : अतानु रॉय* — पा. 24 — ₹ 9.50

   *अणकारपी : माया सरदेसाय*

   हें आगळें-वेगळेंच चित्रमय पुस्तक, प्राण्यांक ज्यो शेपड्यो आसतात तांचो उपेग तीं कशीं 'बुद्ध' वापरून करतात ते आमकां सांगता.

## *पिराय 8-14 वर्सां*

1. **अपुर्बायेच्या पोपटाक**

   Dear Popat — ISBN 81-237-1831-4

   *मधु लिमये / चित्रकार : जगदीश जोशी* — पा. 32 — ₹ 10.00

   *अणकारपी : मनोहरराय सरदेसाय*

   सुटकेझुजारी मधु लिमये हाणी पुर्तुगेज राजवटीआड सत्याग्रह केलो तेन्ना ताकां आग्वादचे बंदीखणीची ख्यास्त जाली. त्या पांदऱ्यातल्यान तांणी आपल्या भुरग्याक सान पत्रां बरयल्ली. तरेकतरेची सुकणी, प्राणी, किडी आनी तांच्या रंगढंगांचे मनभुलोवणे पडबिंब ह्या पुस्तकांन पळोंवक मेळटा, आनी पत्रां-झेल्याच्या निर्भय स्वरान गोंयच्या स्वतंत्रायेचे झूज पर्थून दोळ्यांमुखार उबें रावता.

2. **हाडापसून फातरामेरेन**
From Bone to Stone ISBN 81-237-3885-4
*कॅरन हॅडॉक* पा. 28 ₹ 30.00
*अणकारपी : कमलादेवी राव देशपांडे*
दोन डायनासॉरांमदीं 67 दशलक्ष वर्साआदीं झूज जालें आनी तातूंत एकट्याक मरण येवन उपरांत ताचें जिवाश्मीकरण कशें जालें ताची सचित्र कथा हातूंत सांगल्या. ह्या पुस्तकांत भुरग्यांक अभ्यास करपाखातीर खूप माहिती आसा. तशेंच मनशाचे धर्तरेचेर उत्क्रांती कशी जाली तें दाखोवपी तक्तो आसा.

## *पिराय 9-11 वर्सां*

1. **कोण चड बुदवंत**
Who's Smarter ISBN 81-237-2776-3
*गीता अय्यंगार / चित्रकार : अतानू रॉय* पा. 36 ₹ 12.00
*अणकारपी : प्रकाश थळी*
स्वतःक शाणो समजुपी एक भटमाम आनी एक तरणाटो शींव हांची ओडलायणी काणी. अतानू रॉय हांची कॉमिक चित्रां आनी सोबीत मांडावळ.

2. **पर्जळिती घोल**
The Cristal Cave ISBN81-237-2696-1
*अरुपकुमार दत्त/ चित्रकार : पुलक विश्वास* पा. 32 ₹ 12.00
*अणकारपी : शीला कोळंबकार*
अरुणचल प्रदेशांत खूब जाती जमाती आसात. तातुंतल्या दोंगराळ सुवातीर रावपी नोक्ते हे जमातींतली दोन भुरगीं मिठाचो सोद घेवपाखातीर दाट रानावनांतल्या संकश्टांक निश्चेवान तोंड दितात. तांच्या जैताची काणी.

3. **फुकटांत भोंवडी**
The Stowaway ISBN 81-237-2660-0
*मेलानी सेक्वेरा / चित्रकार : हरिंदर सिंग* पा. 24 ₹ 10.00
*अणकारपी : जयमाला दणायत*
मार्को बुकी हो माजरांतलो व्हड 'संशोधक', किंतेय करून बोटीर चडपाचे धारायता आनी तो पावतकीच रांदपीमाम, खलाशी, कॅप्टनमाम हांचो बोवाळ जाता. पुणून एके हुनुल्लेकडेन बुकीची आमिगाद जाता आनी ताका भोंवडेची संद मेळटा. एके गोंयकार लेखिकेची खुसखुशीत काणी.

4. **मीता आनी ताचे जादुचे मोचे**

Mitha & Her Magic Shoes ISBN 81-237-1954-X

*बी. जी. गुज्ञरप्पा* पा. 16 ₹ 7.00

*अणकारपी : हेमा नायक*

मीता सदाव उडपांची सपनां पळयता. एक दिस ताका पांखा आशिल्ल्या मोच्याचो जोड मेळटा आनी मागीर किते जातां तें ह्या ओडलायण्या पुस्तकांत वाचात.

5. **मोहनी आजनी राकेस**

Mohini & The Demon ISBN 81-237-1168-9

*शांता रामेश्वर राव* पा. 32 ₹ 11.00

*अणकारपी : कमलादेवी राव देशपांडे*

*चित्रकार : प्रणब चक्रवर्ती*

मोहनी नांवाची चली गांवांक पिडटल्या राकेसाक हात माथ्यार दवरूंक लावन ताचो कसो गोबर करतां हें ह्या पुस्तकांत वाचूंक मेळटा. सुंदर चाररंगी चित्रां.

6. **मंगुचो भोंवरो**

Mungu's Top ISBN 81-237-1167-0

*कामाक्षी बालसुब्रमण्यन* पा. 24 ₹ 9.50

*अणकारपी : भिकू बोमी नायक*

*चित्रकार : अमिताभ सेनगुप्त*

ह्या पुस्तकांत एक गरीब भुरगो खेळणें नाशिल्ल्यान कसो खंतीन दीस सारता आनी एक पोरणो भोंवरो ताका मेळ्ळे उपरांत तो घांसून पुसून नवो लकलकीत कसे करता हाची काणी सांगल्या. ओडलायणी चित्रां.

7. **सगळयांचे सांगती, सगळ्यांचे इश्ट**

Stories from Bapu's Life ISBN 81-237-1166-2

*उमाशंकर जोशी* पा. 32 ₹ 11.00

*अणकारपी : गोदूबाय केळेकार*

*चित्रकार : मिकी पटेल*

ह्या पुस्तकांत महात्मा गांधींच्या भुरगेपणांतल्यो कांय गजाली आनी भुरग्यांक गांधीजी कशी देख दिताले तें वाचूंक मेळटा.

8. **सोरपाची करामत**

Snake Trouble ISBN 81-237-2464-0

*रस्कीन बाँड / चित्रकार : मिकी पटेल* पा. 32 ₹ 8.00

*अणकारपी : जयंती नायक*

रस्टीचो आजो निवृत जावन आगळी वेगळी जनांवरां पोसून आपले दीस उमेदीन सारता. टोटो माकड, पोपेये पोपट, कुकडां अशा तांगेल्या संवसारांत एक दीस एका हाराचो प्रवेश जाता. आनी मागीर घरादारांत, ट्रेनीतल्या प्रवासांत जो घुस्पागोंदोळ जाता ताची मिश्कील काणी.

## *पिराय 12-14 वर्सां*

1. **अप्रूप जीवसृष्ट**

The Wonderful World of Insects ISBN 81-237-2659-7

*हरिंदर धनुआ मोतिहार* पा. 40 ₹ 14.00

*चित्रकार : पावलिना धनुआ*

*अणकारपी : दिनेश आर. मणेरकर*

धर्तरेर धा लाखांपरस वयर तरा आशिल्ले जीव आसात. पृथ्वीचेर ते लाखांनी वर्सा रावतात. तांतुतल्या आमचें भोंवतणींच्या कांय जिवांची घडण, वाड, खाण-जेवण, संवयी, घरां ही अप्रूप जीवसृष्ट दोळ्यांमुखार उबी करपी मोलादीक पुस्तक.

2. **उदकांतली अप्रूप सृश्ट**

Wonder World Under Water ISBN 978-812-237-6340-8

*बी. एफ. छपगर/ चित्रां : प्रणब चक्रवर्ती* पा. 72 ₹ 35.00

*अणकारपी : दिनेश रा. मणेरकर*

उदका सकयल आशिल्ल्या अजापाच्या जीणेच्या प्रसंगांचें वर्णन करपी एक सचित्र पुस्तक.

3. **एव्हेरेस्ट तेमकावेली म्हजी भोंवडी**

Everest : My Journey to the Top ISBN 812-237-2761-5

*बच्चेंद्री पाल/अणकारपी : मुकेश थळी* पा. 40 ₹ 14.00

बच्चेंद्री पाल ही एव्हरेस्ट तेमकाचेर चडपी पयली भारतीय बायल-मनीस. एव्हरेस्ट चडपाचे तिच्या वाटेर जायती आडमेळीं आयलीं; पुणून निश्चेव आनी साहस हांच्या बळार तिणें आपलो एव्हरेस्टचो हावेस कसो पुराय केलो ताची काणी वाचात तिच्याच उतरांनी.

4. **काणयो देखदिण्यो-खोसदिण्यो**

Stories of Light & Delight ISBN 81-237-2225-7

*मनोज दास/ अणकारपी : मीना काकोडकार* पा. 64 ₹ 10.00

*चित्रकार : मारियो मिरांडा/*

ह्या पुस्तकांतल्यो देखदिण्यो सुंदर भारतीय लोकांकाणयो भुरग्यांक पर्थून पर्थून पारायणां करूंक भोंव आवडटल्यो. गोंयचें नामनेचें चित्रकार मारियो मिरांडा हांची ओडलायणी चित्रां.

5. **बोरयेचो पूल**

Bridge at Borim ISBN 81-237-4679-2

*सुरेखा पाणंदीकार* पा. 80 ₹ 16.00

*चित्रकार : शशी शेटये*

*अणकारपी : ?*

गोंयच्या नुस्तेकार समाजांतलो एक तरणो भुरगो, झुजे, हाची आनी गोंयच्या सुटकेझुजांतल्या ताच्या विराक सोबसारकिल्या पराक्रमाची ही काणी.

6. **भारताचे बालवीर**

India's Your Heroes ISBN 81-237-1187-5

*सिग्रुन श्रीवास्तव* पा. 64 ₹ 8.00

*चित्रकार : रवी परांजपे*

*अणकारपी : दिलीप देशपांडे*

ह्या पुस्तकांतल्यो चैतन्य दिवपी स काणयो राष्ट्रीय पुरस्कार मेळोवपी भुरग्यांच्या धाडशी कर्तुपांचेर आनी शौर्याच्या काणयांचेर आदारिल्ल्यो आसात.

7. **मदर तेरेजा**

Mother Teressa ISBN 81-237-1165-4

*लीला मजुमदार* आनी *बच्ची करकरिया* पा. 64 ₹ 7.50

*चित्रकार : पावलिना धनुआ*

*अणकारपी : फेलिस्यु कार्दोज*

मदर तेरेजाक मान्यताय दिवप म्हळ्यार पिडेस्तांच्या गरजांक मान्यताय दिवप. भुरग्यांखातीर बरयल्ली तिची ही अप्रुप जीवित कथा जाणट्यांकय तितलींच आवडटली. दुर्मिळ फोटे.

8. **नेपाळी बेब्यांची धाडशी कर्तुबां**

Adventures of A Nepali Frog ISBN 978-81-237-9035-0

*कणक मणि दीक्षित/अणकारपी : नयना आडारकार* पा. 112 ₹ 70.00

भक्तप्रसाद भ्यागुतो हो काठमांडूचो एक तरणाटो. ताणें केल्ली साहसी कर्तुबां वाचतना वाचकाक एक आगळी-वेगळी खोस मेळटा.

## सर्जनशील शिक्षण

1. **दिसा सपन**

Divaswapan ISBN 81-237-3200-7

*गिजुभाई बधेका/अणकारपी : रवीन्द्र केळेकार* पा. 96 ₹ 30.00

हे पुस्तक उमेदीन भुरग्यावांगडा नवेनवे प्रयोग करपी आनी शिक्षण सिद्धांतांन मेकळ्या आनी स्वावलंबी वातावरणाक म्हत्व दिवपी मास्तराची काणी सांगता. मोंतेस्सोरी पद्धतीन प्रभावित जाल्ल्या नामनेच्या शिक्षण तज्ञाचे हे पुस्तक एक फुडार आमचे मुखार दवरता.

## निरंतर शिक्षणमाळ

1. **नातीं दोन दिसांची**

Nati Don Disanchi ISBN 81-237-2241-9

*चंद्रकात केणी/चित्रकार : पी. सेनगुप्ता* पा. 68 ₹ 10.50

गोंयचे स्वतंत्रतायेच्या झुजाचे फाटभूंयेचेर बरयिल्ले 'एकलो एकसुरो' हे वैशिश्ट्यपूर्ण नवलिकेचें संक्षिप्त रुप. एका स्वातंत्र्यसैनिकाच्या जिवितांतली वेगवेगळी मोडां हे पुस्तकांत समर्थकायेन चित्रीत जाल्यांत.

2. **होरावणी**

Horavani ISBN 81-237-2253-3

*संकलन : पुरुषोत्तम काकोडकर* पा. 56 ₹ 10.00

*चित्रकार : पार्थो सेनगुप्त आनी दीपक मैत्र*

गोंयच्या स्वातंत्रझुजाच्या मळार जी गीतां देशभक्तांक प्रेरणा दितालीं आनी सामान्य मनशाच्या काळजांत स्वतंत्रतायेचें जोगूल पेटयतालीं, तातुंतल्या वेचींक कोंकणी कवनांचो हो संग्रह.

# नॅशनल बुक ट्रस्ट बुक क्लबाचे वांगडी जायात
आनी
# पुस्तकां विकतीं घेताना सूट मेळयात

एनबीटीचीं पुस्तकां इंग्लीशी भायर 32 भारतीय भाषांत, आनी सवाय मेळटात. ट्रस्टान देशभर चड पुस्तक विक्रेते आपले वेळेरेचेर घेवन दर जिल्ल्यांत पुस्तकां मेळचीं असो. सतत येत्न केला. आमी खूब मेळयलां, पूण बरेंच करपाचें उरलां. कोणाय मनशाक एनबीटीचीं पुस्तकां घेनशीं दिसल्यार ताणें ट्रस्टाक पत्र बरोवचें पडटा. हें खर्चीक आनी वेळ काडपी जाता.

पुस्तकां विपीनीन मागोवपाची प्रक्रिया सोंपी करपा खातीर, ट्रस्टान एनबीटी बुक क्लब सुरू केला. व्यक्तींनी/संस्थांनी बुक क्लबाचे वांगडी **फकत रु. 100 /- जीणभरची वांगडीपण फी भरून** जावं येतात. तांकां सकयल दिल्ल्यो सवलती मेळटल्यो.

1. सगल्या एनबीटी प्रकाशनांचेर 20 प्रतिशत सूट;
2. मागयिल्ल्या पुस्तकांच्या मोलाचेर आदारीत टपाल खर्चांत सूट;
3. दर वांगड्याक दर वर्सा ₹ 500 घेतल्यार एनबीटीचीं ₹ 25 चीं पुस्तकां भेट म्हणून दितले. ताणी विकतीं घेतिल्ल्या पुस्तकांच्या बिलांच्यो मूळ प्रती दाखोवच्यो पडटल्यो. वर्स म्हणल्यार 1 एप्रील ते दुसऱ्या वर्साच्या 31 मार्च अशें अर्थीक वर्स हिसपाक धरतले. कसलेय दावे अर्थीक वर्स सोंपत सावन स म्हणन्यां भितरूच विचरांत घेतले.
4. नवीं प्रकाशनां आनी ट्रस्टच्या एनबीटीचें समाचारपत्र, पुस्तकवळेरी आनी हेर प्रसिद्दी मजकूर हांचे वरवीं धाडटलें.

**नेम आनी अटी**

***वांगडीपण*** : 1. भारताची कोणूय नागरीक/खंयचीय संस्था वांगडी जावंक शकता.
2. वांगड्या कडल्यान ₹50 ची नांवा पुरती वांगडीपण फी घेतात.

***सूट*** : वांगड्यांनी 20 प्रतिशें सुटीचेर ट्रस्टाचें कसलेंय प्रकाशन विकतें घेवं येता.

***टपाल*** : पुस्तकां विपीपीन धाडटात. 50 वा उण्या मोलाच्या पुस्तकांचेर पूर्ण टपाल खर्च; ₹ 51 ते ₹200 मोलाच्या पुस्तकांचेर अर्दो टपालखर्च; आनी ₹ 201 वयल्या मागण्यांक पुस्तकां टपाल खर्चा विरयत धाडटात.

Cut Here

# National Book Trust, India
# NBT BOOK CLUB

Nehru Bhavan, 5 Institutional Area, Phase-II,
Vasant Kunj, New Delhi-110 070
*Phone :* 011-26707700 *Fax :* 011-26121883
*E-mail :* nbtindia@ndb.vsnl.net.in
*Website :* www. nbtindia.org.in

## Membership Form

(*Please send this form along with the Bank Draft of ₹ 100/ 500 in favour of the* ***National Book Trust, India***)

1. Name/Institute (in block letters) : ..........................................
2. Full Postal Address: ................................................................
   ..................................................................................
   ...............................Pin Code :..........................................
3. Phone/Mobile No.: ................................................................
4. E-mail : ...........................................................................
5. Occupation : .....................................................................
6. Age : ...............................................................................
7. Bank Draft Details :
   Bank Draft No. & Date : ......................................................
   Issued by : .......................................................................
   Drawn on : ......................................................................

I have read the rules and regulations for membership of the NBT Book Club and these are acceptable to me.

............................
Signature

Place: ..................
Date: ..................

(*Point Nos. 1, 2, 4, 7 are mandatory*)